**राज्यपालाकडल्यान ईद-उल- फित्रची परबीं**

ता. 20 मार्च 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी ईद-उल-फित्र सणाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या समस्त लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ईद-उल-फित्र सणाच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता. ईद-उल-फित्र सणान रमजानचो पवित्र म्हयनो म्हणजे प्रार्थना, चिंतन, दया आनी आपशिस्तीक समर्पीत काळ सोपता. हो खुशालकायेचो सण भावार्थ, उपकार आनी एकामेकाची काळजी घेवपाचो उत्सव आसा. महम्मद पैगम्बरान समाजाक दिल्ल्या शांतीकाय, दया आनी एकवटाच्या शिकवणीचो उगडास करपाचो हो दीस आसा.

ह्या पवित्र सणाच्या प्रसंगार समाजाच्या सगळ्यां घटकांमदी सलोखो, भावपण आनी एकजूटीचे नाते मजबूत जांव. हो पवित्र सण दर एकल्याच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/195

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.